# राजभवनार हनी मीशन कार्यक्रमाखाला म्होंवामूस पोसपाचे प्रशिक्षण जालें

ता. 2 फेब्रूवारी 2018

13 माघ 1939

राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी गोंय राज्यातल्या ग्रामीण वाठारात खादी आनी ग्राम उद्देगाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर सूरू केल्ल्या उपक्रमाखाला हालिच राजभवनार म्होंवामूस पोसपाचो प्रशिक्षण कार्यक्रम जालो. केंद्रीय खादी आनी ग्राम उद्देग महामंडळाच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या ह्या प्रशिक्षण कार्यक्रमाचे उक्तावण राज्यपालाहस्तूकीं जाले.

शेतकी खात्यान निवड केल्ले गोंयच्या वाठारातले 25 शेतकारभाव ह्या प्रशिक्षण कार्यक्रमात सहभागी जाल्ले. कोंकण बी-किपींग सोसायटीच्या तज्ञ अधिका-यांनी शेतक-यांक म्होवामूस पोसपाचे प्रशिक्षण दिले.

गोंयचे ग्रामीण वाठारातले शेतकांर अशा प्रशिक्षणाचो फायदो घेवन म्होंवामूस पोसून म्होंव विक्रीतल्यान अतिरीक्त येणावळ मेळोवपावांगडाच मेण आनी त्यापासून तयार जावपी उत्पादन तयार करपाक शकतात, अशें राज्यपालान ह्यावेळार सांगले.

म्होंवामूस पोसपाच्या कार्यक्रमावांगडाच खादी आनी ग्राम उद्देग महामंडळावतीन राज्यातले शेतकार, बेरोजगार आनी पारंपारिक कारागिराखातीर पॉटरी, सोलर चरखा विणकाम प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोजीत करपाची येवजण आसा आनी ते खातीर राजभवनार सोलर चरखा विणकाम प्रात्यक्षिक तथा प्रशिक्षण केंद्राची स्थापना केल्या.

ह्या वेळार राज्यपालाहस्तूकीं मातयेची आयदनां-वस्तू तयार करपी मोरजी गावच्या पारंपारीक कारागिरांक सोलर पॉटरी व्हिल्स भेटयली. म्होवामूस पोसपाचे प्रशिक्षण पूर्ण केल्ल्या शेतकारांक प्रमाणपत्रां भेटयली.

राज्यपालान प्रशिक्षण पूर्ण केल्ल्या शेतक-यांक आपल्या गावांतल्या हेर शेतकांर भावांकय म्होवामूस पोसपाचो वेवसाय करपाक प्रोत्साहन दिवपाचो सल्लो दिलो. ग्रामीण वाठारांनी वेवसाय सूरू करपाक खादी आनी ग्राम उद्देग महामंडळावतीन अनुदान तशेंच हेर सुविधा दितात. ग्राम उद्देगातल्यान येणावळीवांगडाच रोजगार निर्माण जाता.

खादी आनी ग्राम उद्देग महामंडळाचे राज्य संचालक श्री. एस. एस. टेंबे हांणी गोंय हे पर्यटन स्थळ आशिल्ल्यान गोंयात हस्तकारागिरी वस्तूंक भरपूर मागणी आशिल्ल्याचे सांगून

राज्यातल्या पारंपारीक कारागिरांक खादी आनी हेर वेवसाया खातीर प्रोत्साहन दिवपाक महामंडळावतीन प्रयत्न चालू आशिल्ल्याचे सांगले.

राजभवनार जाल्ल्या ह्या तीन दिसाच्या प्रशिक्षण कार्यक्रमाच्या उक्तावण आनी समारोप कार्यक्रमाक राज्यपालाचे सचिव श्री. रूपेश कुमार, गोंय खादी ग्राम उद्देग मंडळाचे अध्यक्ष श्री. नारायण सावंत, मुख्य कार्यकारी अधिकारी श्रीमती पुष्पलता आर्लेकर आनी हेर अधिकारी हजर आशिल्लें.